गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

<u>सरकारी पत्रक</u>

**<u>सरकार पर्यटन वेवसायाक आडखळीं येवपाक दिवचें ना-मॉविन गुदिन्हो</u>**

ता.16 ऑगस्ट 2019

पर्यटन हो गोंय राज्यातलो एक मुख्य उद्देग आसा आनी सरकार ह्या उद्देगाच्या वाडीक कसल्योच आडखळीं येवपाक दिवचे ना. हॉटेलकांर, टॅक्सीकांर आनी हेर वेवसायिक पर्यटकांक सुविधां दितना चड दर आकारून फटयतात आनी ताका लागून पर्यटन वेवसायाच्या वाडीक बादा येता. ते खातीर सरकारान पर्यटकांक फटोवपी आनी गोंयचे नांव पिड्ड्यार करप्यांआड कारवाय करपा खातीर कडक उपाय सुरू केल्यात, अशें येरादारी आनी पंचायतमंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो हांणी वास्कोच्या टिळक मैदानाचेर आयोजीत स्वातंत्रताय दीस सुवाळ्यात उलयतना सांगलें.

श्री. गुदिन्हो हांणी सुरवेक राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दिली आनी संचलनाची पळोवणी केली.

फुडें उलयतना श्री. गुदिन्हो हांणी सांगले, आयज संवसारात आमच्या देशाचे वर्चस्व आसा आनी देशाक मान-सन्मान आसा.संवसारात देशाची प्रतिश्ठा वाडपाक देशान विंगड विंगड मळार केल्ली उत्कृश्ट प्रगती, देशाची घटमूट आर्थिक वेवस्था, स्वदेशी तंत्रज्ञान वापरून तयार केल्ली चंद्रयान-2 प्रक्षेपण मोहिम अशीं अनेक कारणां आसात, अशें तांणी सांगलें.

श्री. गुदिन्हो हांणी केंद्र सरकारान जम्मू-काश्मीराक लागू आशिल्ले कलम 370 रद्द करपाच्या घेतिल्ल्या निर्णयाचो उल्लेख करून ह्या निर्णयाक लागून आता जम्मू- काश्मीराचो विकास जावपाक मदत जातली, अशें सांगलें.

स्वातंत्रताय दीस सुवाळ्याक उपजिल्होधिकारी श्री. परेश फळदेसाय, पुलीस उपअधिक्षक श्रीमती सुनिता सावंत, मामलेदार श्री.सतीश प्रभू, हेर सरकारी खात्यांचे अधिकारी आनी वेगवेगळ्यां शाळांची भुरगीं हजर आशिल्ली.

सुरवेक उपजिल्होधिकारी श्री. परेश फळदेसाय हांणी मंत्री श्री. गुदिन्हो हांका सुवाळ्याच्या थळार येवकार दिलो.

श्री. उमेश डिचोलकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/501

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA